# <u>मद्यवर्ती वाचनालयान ग्रंथपाल दीस मनयलो</u>

ता. ९ ऑगस्ट २०१८

१८ श्रावण २०१८

कला आनी संस्कृती मंत्री श्री. गोविंद गावडे हांणी ग्रंथपालांनी वाचनालय चळवळीचे जनक डॉ. एस.आर.रंगनाथन हांणी घालून दिल्ल्या तत्वांक पाळो दिवन आपल्या भोंवतणच्या लोकांमदी वाचन संस्कृती रुजोवपाचे कार्य करपाची गरज उक्तायली.

श्री. गावडे आयज कला आनी संस्कृती संचालनालय आनी कृष्णदास श्यामा गोंय राज्य मध्यवर्ती ग्रंथालयान पाटो-पणजेच्या संस्कृती भवनांतल्या बहुउद्देशीय सभाघरांत आयोजीत ग्रंथपाल दीस कार्यक्रमाचे मुखेल सोयरे म्हूण उलयताले.

कला आनी संस्कृती संचालनालयाचे संचालक, श्री. गुरुदास पिळर्णकर, मध्यवर्ती ग्रंथालयाचे क्युरेटर डॉ. कार्लोस फर्नांडीस ह्या वेळार उपस्थीत आशिल्ले. "नवीन तंत्रज्ञानांतल्यान ग्रंथालयानी सुदारणा" ह्या विशयाचेर आयोजीत परिसंवादांत गोंय आनी हेर राज्यांतल्या २१ ग्रंथपालांनी रिसर्च पेपर सादर केले.

फुडें उलयताना मंत्र्यांनी मध्यवर्ती वाचनालयाचे क्युरेटर आनी कर्मचाऱ्यांक वाचनालयाचो दर्जो वाडोवपाक बरें काम करपाक सांगले. मध्यवर्ती वाचनालय ही गोंयांतली सगळ्यांत पोरणी संस्था आसून ती देशांतले एक ज्ञानाचे केंद्र आसा. कर्मचाऱ्यांची समर्पित भावना, परिश्रम आनी निर्धारांतल्यान हे वाचनालय आशियांतले एक व्हड वाचनालय जावपाक मदत जातली, अशे तांणी म्हटले.

संवसारांतल्या बुद्दीवान लोकांक एकत्रीत जोडपाक ग्रंथपाल महत्त्वाची भुमिका निभावपाक शकता. वाचनालय चळवळ गांवागांवांनी पावोवपाक मध्यवर्ती वाचनालय म्हत्त्वाचे योगदान दिवपाक शकता, अशे सांगून श्री. गावडे हांणी ग्रंथपालानी लोकांक पुस्तकां वाचपाची सवय लावपाक आनी प्रमाणिकपणान काम करपाक सांगले.

ग्रंथपाल हे समाजाचे मीत्र आसात आनी तांणी आपले ज्ञान एकामेकांमदीं वाटपाची गरज आसा अशेंय तांणी म्हटले.

सुरवेक डॉ. कार्लोस हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. श्री. पिळर्णकार हांणी ग्रंथपाल दिसाचे म्हत्त्व पटोवन दिले.

ह्या वेळार मंत्र्याहस्तुकीं मध्यवर्ती वाचनालयाच्या वर्सुकी अहवालाचे तशेंच ‘वॅस्टकोस्ट टाईम, तियात्र माची-खंड-II पुस्तकाचे, ओ-ग्लोबो साप्ताहीक आनी ‘गोवा-LIS २०१८’ पियर रिसर्च पेपर नेमाळ्यांचे प्रकाशन जालें.

श्री. सतीश नार्वेकार हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले तर श्रीमती सुलक्षा कोळमूळे हांणी निमणे उपकार मानले. कार्यक्रमांक शाळां, महाविद्यालयां आनी वाचपघरांचे ग्रंथपाल हजर आशिल्ले.

मा/वाप/टीएससां/जॉआ/विगा/सुना/बिंभ/२०१८/१४२४